19th May 2026

8.40am

आकाशवाणी पणजी

मुखेल खबरो

1. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी ओस्लो हांगा जाल्ल्या, भारत-नॉर्वे वेवसाय आनी संशोधन शिखर सभेंत वांटो घेतलो. 100 अब्ज अमेरिकन डॉलर गुंतवणूक आनी भारतांत १० लाख नोकऱ्यो, निर्माण करपाचे आवाहन केले. आयज भारत-नॉर्डिक शिखर सभेंत, प्रधानमंत्री मोदी जातले वांटेकार.
2. न्यायमूर्ती यशवंत वर्मा हांच्या आड आशिल्ल्या आरोपांची, चौकशी करपी न्यायाधीश चौकशी समितीन आपलो अहवाल, लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हांकां सादर केलो.
3. अस्तंत बंगाल सरकारान कोलकाताच्या आर.जी. कार मेडिकल कॉलेजचे आदले प्राचार्य, संदीप घोषाचेर खटलो चलोवपाची मंजुरी दिल्या.
4. आयपीएल क्रिकेटांत, सनरायझर्स हैदराबादान चेन्नय सुपर किंग्साक, पांच विकेटींनी हारोवन प्लेऑफांत सुवात मेळयल्या.
5. भारतीय हवामान खात्यान आयज, मध्य प्रदेश आनी उत्तर प्रदेशांत उष्णतेच्या ल्हाराचो 'ऑरेंज अलर्ट' जारी केला.

पीएम नॉर्वे

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी ओस्लो हांगा जाल्ल्या, भारत-नॉर्वे वेवसाय आनी संशोधन शिखर सभेंत वांटो घेतलो. युवराज हाकोन आनी नॉर्वेचे प्रधानमंत्री जोनास गहर स्टोरे हांणी लेगीत ह्या शिखर सभेंत वांटो घेतिल्लो. शिखर सभेंक संबोधित करताना, प्रधानमंत्री मोदी हांणी वेपार आनी अर्थीक भागीदारी करार म्हळ्यार 'टेपा' चालीक लागले उपरांत, द्‌विपक्षीय वेपार आनी गुंतवणुकींन वाड जाल्ल्याची तोखणाय केली. दोनूय वटांच्या भागधारकांनी टेपा खाला, 100 अब्ज अमेरिकन डॉलर गुंतवणूक मोख साध्य करपा खातीर आनी भारतांत दशलक्ष नोकऱ्यो निर्माण करपा खातीर यत्न

करचे, अशें तांणी सांगलें. भारतांत ब्ल्यू इकॉनॉमी, जहाज बांदावळ, नवीकरणीय उर्जा, भलायकी-तंत्रज्ञान, खनिज आनी स्टार्टअप अशा मुखेल क्षेत्रांनी, चड गुंतवणूक करपाक प्रधानमंत्री मोदी हांणी नॉर्वेक उर्बा दिली.

पीएम नॉर्डिक समीट

तंत्रगिन्यान, नवीकरणीय उर्जा, संरक्षण, वेपार ह्या मळार नॉर्डिक राश्ट्रां कडेन भारताची रणनिती भागीदारी घटमूट करपाचो हेत आशिल्ल्या, आयज ओस्लो हांगा जावपी तिसऱ्या भारत-नॉर्डिक शिखर सभेंत, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाजीर रावपाचे आसात.

Birla report

न्यायमूर्ती यशवंत वर्मा हांच्या आड आशिल्ल्या आरोपांची, चौकशी करपी न्यायाधीश चौकशी समितीन आपलो अहवाल, काल संसद भवनांत लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हांकां सादर केलो. न्यायाधीश (चौकशी) कायदो, १९६८ अंतर्गत आशिल्ल्या कायदेशीर गरजां प्रमाण, हो अहवाल सादर केला. हो अहवाल वेळार संसदेच्या दोनूय सभाघरांनी मांडटले. लोकसभा अध्यक्षांनी फाटल्या वर्सा, १२ ऑगस्टाक हे समितीची थापणूक केल्ली. न्यायाधीश चौकशी समितीचे Presiding Officer आनी सर्वोच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश न्यायमूर्ती अरविंद कुमार, मुंबई उच्च न्यायालयाचे मुख्य न्यायाधीश न्यायमूर्ती चंद्रशेखर आनी कर्नाटक उच्च न्यायालयाचे वरिश्ठ वकील बी. व्ही. आचार्य हांणी हो न्यायाधीश चौकशी समितीचो अहवाल, बिर्ला हांकां सादर केलो.

WB

अस्तंत बंगाल सरकारान कोलकाताचें आर.जी. कार मेडिकल कॉलेज आनी हॉस्पिटलचे आदले प्राचार्य, संदीप घोषाचेर खटलो चलोवपाची मंजुरी दिल्या. कलकत्ता उच्च न्यायालयाच्या आदेशा उपरांत आनी सी.बी.आयन केल्ल्या चवकशे उपरांत, ही कारवाय जाल्या. संदीप घोषाचेर वैजकी म्हाविद्यालयांतल्यान खरेदी संबंदीत गजालींनी, अर्थीक अनियमितताय केल्ल्याचो आरोप आसा. ह्या प्रकरणांत आनीक तीन संस्थांची लेगीत चवकशी सुरू आसा. सी.बी.आयन भ्रश्टाचार आनी गुन्यांवकारी कटाच्या आरोपांत, केस नोंद केला.

गोयल

जागतिक आव्हानां आणि अनिश्चितताय असून लेगीत, भारत वेगान प्रगती करता, अशे केंद्रीय वाणिज्य आणि उद्योग मंत्री पियुष गोयल यांनी म्हणला. नवी दिल्लीत 'भारत व्यापार महोत्सवा'च्या वेबसाइटीचे उद्घाटन करतना ते उलयताले. उमेद केनाच उणी करुक दिवची न्हय आनी सगळ्यांनी काम करत रावचे, हाचेर ताणी भर दिलो. 'विकसित भारत २०४७' चे ध्येय साध्य करपाच्या दिशेन भारतातले उद्योग, व्यापारी समुदाय आणि लोकांमदी इतलो उत्साह आसा, की जगातली खंयचीच शक्त भारताक थांबोवंक शकना, अशे ताणी म्हळे.

Amit Shah

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी काल, छत्तीसगढ भेटी वेळार बस्तर जिल्ह्यांतल्या नेता-नार गांवांत, भौशीक सेवा केंद्राचें उक्तावण केलें. ह्या केंद्राक आदिवासी फुडारी आनी सुटके झुजारी हुतात्मा वीर गुंडाधुर हांचें नांव दिल्लें आसा. सी.आर.पी.एफ सुरक्षा शिबिराच्या आवारांत भौशीक सेवा केंद्र स्थापन केलां. मंत्री शाह हांणी म्हळां की, फुडल्या देड वर्सामदीं, बस्तरांतल्या सुमार २०० सुरक्षा कॅम्पां पैकी, ७० कॅम्पांचे अशाच सेवा केंद्रांनी रूपांतर करतले. ह्या केंद्रांवरवीं बँकींग सुविधा, आधार सेवा, रेशन कार्ड, कौशल्य प्रशिक्षण तशेच केंद्र आनी राज्य सरकारांच्या, सगळ्या येवजणांचो लाव मेळटलो. केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा आयज जगदलपूरांत केंद्रीय विभागीय मंडळाचे बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटले. छत्तीसगड, मध्य प्रदेश, उत्तर प्रदेश आनी उत्तराखंडांतले मुख्यमंत्री आनी वरिश्ठ अधिकारी हे बसकेक हाजीर रावपाचे आसात.

Shivraj Singh Chauhan

केंद्रीय कृषी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी काल शेतकार, व्यापारी आनी कृषी क्षेत्रांतल्या भागधारकांखातीर प्रकिया सोप्यो करपाच्या उद्देशान केल्ल्या, जायत्या व्हड सुधारणा उपायांचो आढावो घेतलो. ह्या बसकेत कृषी आनी शेतकार कल्याण मंत्रालयाचे सचिव अतिश चंद्र हांणी, केंद्रीय कृषी मंत्र्यांक,

मंत्रालयावतीन लागू केल्ल्या वेगवेगळ्या सुधारणांविशीं आनी फुडल्या काळांत येवपी, सुधारणा उपक्रमांविशीं खोलायेन माहिती दिली.

Agriculture Ministry

कृषी आनी शेतकार कल्याण मंत्रालयान सांगलां की, चालू म्हयन्याच्या १५ तारखे मेरेन गिमाच्या पिकांखाला आशिल्ल्या क्षेत्राची वाढ जावन, तें ८३ लाख हेक्टरा परस चड जालां. मंत्रालयान म्हळां की, फाटल्या वर्साच्या याच काळाच्या तुळेत, गिमाच्या पिकांच्या क्षेत्रांत, तीन लाख हेक्टरा परस चड मोलाची, वाढ जाल्ली पळोवपाक मेळ्ळ्या. तांणी सांगलां की, ३१ लाख हेक्टर क्षेत्राचेर भाताची पेरणी जाली, जाल्यार २४ लाख हेक्टरा परस चड क्षेत्राचेर, कडधान्यांची लागवड जाली. मंत्रालयान सांगले, १६ लाख हेक्टरा परस चड क्षेत्र, 'श्री अन्न' आनी भरड धान्यांच्या लागवडीखाला आयलां. जें फाटल्या वर्साच्या याच काळा परस, सुमार एक लाख हेक्टर चड आसा. तेच वांगडा, तेलबियांखाला आशिल्ले शेती क्षेत्र, ११ लाख हेक्टरा परस चड नोंद जालां.

Trump

अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी कतार, साउदी अरेबिया आनी संयुक्त अरब अमीरात, ह्या देशांच्या फुडाऱ्यांच्या विनंती प्रमाण, इराणाचेर लश्करी हल्लो तात्पुरतो स्थगीत केला, अशें सांगलां. युद्धविराम करपा खातीर गंभीर वाटाघाटी सुरू आसात, हाका लागून लष्करी हल्ले फुडें धुकलल्यात, हे ट्रम्प हांणी नदरेक हाडलें. अमेरिका आनी मध्य उदेंतांतल्या राश्ट्रांक, मान्य आशिल्ली कबलात बेगीन जावंक शकता, असो विश्वास राष्ट्राध्यक्ष ट्रम्प हांणी उक्तायला.

IPL

आयपीएल क्रिकेटांत, सनरायझर्स हैदराबादान चेन्नय सुपर किंग्साक, पांच विकेटींनी हारोवन प्लेऑफांत सुवात मेळयल्या. हैदराबादाक आतां 16 गूण मेळ्ळ्यात, आनी पंगडान प्लेऑफांत सुवात मेळयल्या. गुजरात टायटन्स लेगीत निमाण्या चारांत पावल्या, जाल्यार रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून प्लेऑफांत पात्रताय मेळयल्या. आयज ह्या

सर्तींत जयपूरांत सांजे 7:30 वरांचेर, राजस्थान रॉयल्स पंगड, लखनौ सुपर जायंटस आड खेळटलो.

IMD

भारतीय हवामान खात्यान आयज, मध्य प्रदेश आनी उत्तर प्रदेशांत उष्णतेच्या ल्हाराचो 'ऑरेंज अलर्ट' जारी केला. हरियाणा, चंदीगढ, मराठवाडा, पंजाब, राजस्थान, तेलंगणा आनी विदर्भांतय उष्णतेची लाट येवपाची शक्यताय आसा. तेच वांगडा राजस्थान, विदर्भ आनी अस्तंत उत्तर प्रदेशांत रातीचें तापमान वाडपाचो अदमास आसा. आयज दर्यादेगेवयलो आंध्र प्रदेश आनी ओडिशात, उष्ण आनी दमट हवामान आसपाची शक्यताय आसा. आयएमडीन आयज अंडमान आनी निकोबार जुंवे, केरळ, माहे, लक्षद्वीप, ईशान्य भारताचे कांय वाठार, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांगा व्हडा प्रमाणांत, पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. आंध्र प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, झारखंड, कर्नाटक, केरळ, माहे, कोंकण, गोंय आनी मध्य महाराष्ट्रात जगला आनी खर वाऱ्या वांगडा, गडगड मारपाची शक्यताय आसा, अशें आयएमडीन सांगलें.

Announcement

ही आसा एक कळोवणी. आकाशवाणी पणजी 'कॅज्युअल असाइनीज', न्यूज रीडर-कम-ट्रान्सलेटर ह्या वर्ग वारीत, तात्पुरत्या कराराचेर पात्र उमेदवारां कडल्यान अर्ज मागयता. उमेदवार पदवीधर, पीराय 21 ते 50 वर्सां, कोंकणी भाशेचें बरें गिन्यान, इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब तशेच प्रसारणाखातीर योग्य आवाज आसपाक जाय. आपलो अर्ज 'हेड ऑफ आर.एन.यू, आकाशवाणी आल्तिन्हो पणजी, हांगा सादर करचो. अर्ज करपाक निमणी तारीख 1 जून अशी आसा.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

1. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी ओस्लो हांगा जाल्ल्या, भारत-नॉर्वे वेवसाय आनी संशोधन शिखर सभेंत वांटो घेतलो. 100 अब्ज अमेरिकन डॉलर गुंतवणूक

आनी भारतांत १० लाख नोकऱ्यो, निर्माण करपाचे आवाहन केले. आयज भारत-नॉर्डिक शिखर सभेंत, प्रधानमंत्री मोदी जातले वांटेकार.

2. न्यायमूर्ती यशवंत वर्मा हांच्या आड आशिल्ल्या आरोपांची, चौकशी करपी न्यायाधीश चौकशी समितीन आपलो अहवाल, लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हांकां सादर केलो.
3. अस्तंत बंगाल सरकारान कोलकाताच्या आर.जी. कार मेडिकल कॉलेजचे आदले प्राचार्य, संदीप घोषाचेर खटलो चलोवपाची मंजुरी दिल्या.
4. आयपीएल क्रिकेटांत, सनरायझर्स हैदराबादान चेन्नय सुपर किंग्साक, पांच विकेटींनी हारोवन प्लेऑफांत सुवात मेळयल्या.
5. भारतीय हवामान खात्यान आयज, मध्य प्रदेश आनी उत्तर प्रदेशांत उष्णतेच्या ल्हाराचो 'ऑरेंज अलर्ट' जारी केला.
6. इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले, आयज सांजे ६ वरा जावन ३० मिनटांचेर.